१८-०६-२०२५

सकाळी - ७.२५

प्रादेशिक खबरो

अन्नधन - १५०

राज्यपाल पी.एस श्रीधरन पिल्लय हांच्या मार्गदर्शनाखाला आनी गोंय सरकार आनी Goa Street Providence ह्या बिगर सरकारी संघटनेच्या जोडपालवान गरजु मनशांक दोन वेळ जेवण दीवपी राजभवन अन्नधन येवजण काल चालीक लायली. हे शिवाय कीडणी डायलेसीस आनी केन्सराचे दुयेतींक मजत म्हण राज्यपाल पीं एस श्रीधरन पिल्लय हांणी दरेकी 25 हजार इतकी अर्थिक मजत दीवपी धनादेश दीले.

गरजुंक अन्नदान करपी देशातले गोंय हे पयले राजभवन आसतले अशे ह्यावेळार कार्यावळीचे मानाचे सोयरे म्हण गोंयचे आदले सभापती आनी केरळचे सद्याचे राज्यपाल राजेंद्र आर्लेकार हांणी म्हळा. राज्यपाल पी.एस श्रीधरन पिल्लय हे मनीसपणातल्यान गोंयकाचे वेगवगळे प्रस्न सुटावे करीत आसा,तांचेमदी समाजाची उदरगत करपाची तळमळ आसा. गोयचे राजभवन फकत राजभवन न्ही जाल्यार लोकभवन जाला अशें राजेंद्र आर्लेकार हांणी म्हळा.

byte

गोंयचे राज्यपाल पी. एस श्रीधरन पिल्लय हांचे समाजात घडपी बाबीचेंर, तशेचं संस्कृताय आनी लोकजीणेचेर खोलायेन अभ्यास करुन केल्ले लेक

आसात. गोंयच्या बाबतीत तांणी बरयिल्ली पुस्तका फुडल्या पिळगेक मार्गदर्शन करपाक महत्वाची थारतली अशें ह्यावेळरा मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी म्हळा. byte

कामकाज सल्लागार बसका - १४०

पावसाळी अधिवेशनाच्या कामकाजाविशी चर्चा करून ते निश्चीत करपा खातीर कामकाज सल्लागार समितीची बसका 7 जुलयाक विधानभवनात जातली. पावसाळी अधिवेशन 21 जुलय ते 8 ऑगस्ट मेरेन जातले. पंदरा दिस चलपी अधिवेशना खातीर प्रस्न 28 जून सावन घेवपाक सुरवात जाली. 15 जुलय मेरेन अर्ज स्वीकारपाची मुजत आसा.

राज्यपाल पी. एस. श्रीधरन पिल्लय हांणी अधिवेशनाची अधिसूचोवणी जारी केल्या. अधिवेशन 15 दिस चलतले. कामकाज सल्लागार समितीची बसका 7 जुलयाक जातली, अशी म्हायती सभापती रमेश तवडकार हांणी दिली. अर्थसंकल्पी अधिवेशन उण्या दिसाचे जाल्ले. पावसाळी अधिवेशन चड दिसांचे जातलें, अशे तेन्ना स्पश्ट केल्ले. ते प्रमाण हे अधिवेशन 15 दिसांचे जातलें. अधिवेशन सदचे प्रमाण सकाळी 11.30 वराचेर सुरू जातलें. दनपारा 1 ते 2.30 मेरेन जेवणाचो मध्यंतर आसतलो. 6 उपरांत सभाघराचे कामकाज तहकूब जातलें. दरेकी आमदाराक तारांकीत प्रस्नांच्यो चडात चड तीन जाल्यार अतारांकीत प्रस्नांच्यो 15 नोटिसो दिवपाक मेळटल्यो. अधिवेशनाचो कालावधी उणो आसा, अशी टीका काँग्रेस तशेच गोवा फॉरवर्ड पक्षान केल्या.

**चिखलकालो महोत्सव**

अंदु चिखलकालो महोत्सव 5ते 7 जुले ह्य काळात  माशेल देवकी कृस्ण देवळा सामकारच्य वाठारात आयोजित केला शे गोंय पर्यटन खात्यान कळीत केला.

उमेदीन आनी आध्यात्मिक उमेदीन मनयतात तो चिखल कालो गोंयचे परंपरेंत खोलायेन रुजला.    ह्या चिखकाल्यात   जात कात, धर्म विसरुन सगळे एकचारान वाटो घेतात. चिखवकाल्यातल्यान समाजान इस्टागतीन आनी एकचारान रावपाचो संदेश देव श्रीकृस्ण आनी आपल्या लीलेतल्यान  पंरपरागत रचुम दवरला अशे आदिपासुन चिखलकालो खेळपी तळावे जाण्ये सागंतात.

5 जुलय (दशमी) च्या शुभमुर्ताचेर  सुरु जावपी  ह्या चिखलकाल्याच्य निमचतान गोंय पर्यटन खात्यान गोंयचे पारंपारीक शाकाहारी पदार्थ दाखोवपी रांदपाचे सर्तीचे आयोजन केला. ताचे उपरांत 'नाचू कीर्तनाचे रंगी', हो  भक्तीपूर्ण संगीत कार्यक्रम, आनी 'विट्ठलवारी' चें   ह्या कार्यावळीचे आयोजन चिखलकाल्यादरम्यान सादरीकरण जातलें.

यूएस ओपन -  ५०

आयुष शेट्टीन २०२५च्या यूएस ओपन बॅडमिंटन सर्तीत जैत मेळोवन इतिहास घडयलो. ह्या हंगामात बॅडमिंटन वर्ल्ड फेडरेशन-बीडब्ल्यूएफ वर्ल्ड टूर वस्तादपण मेळोवपी  तो पयलो भारतीय खेळगडो थारलो.  निमण्या फेरीयेत आयुशान कॅनडाच्या ब्रायन यांग हाका २१-१८, २१-१३ अशें हारयले. बेसबरो खेळ करताना तांणे ह्या खेळाचेर वर्चस्व दवरले. ते आदी उपांत्य फेरीयेत, तांणे चोउ टिएन चेनाक  हारयल्ले.

हवामान - ५०

गोंय वेधशाळेन दिल्ले म्हायती प्रमाण फाटल्या दोन दिसात राज्यात खूपश्या वाठारांनी हलको ते मध्यमस्वरुपाचो पावस पडला. वादळ वा जोगलांच्या घडणूकांची नोंद ना. तशेच वादळी वा-याचीय नोंद ना. फुडले 4ते 5 दिस अशेच वातावरण आसपाचो अदमास आसा. दोनूंय जिल्ल्यांनी हलको ते मध्यम स्वरुपाचो पावस पडटलो, असो अदमास गोंय वेदशाळेन उक्तायला.